## गोंय पुलिसाच्या सायबर विभागान फोन अर्थीक फटवणुके विशीं शिटकायला

10  एप्रील 2020

सध्याच्या कोरोनावायरसाच्या फाटभुंयेर नव्या तरेच्या फोन अर्थीक फटवणुकेची पद्‌दत दिसून आयल्या जंय ईएमआय फुडें धुकलपा विशीं लोकांक फोन करतात आनी डेबिट/क्रेडीट कार्डाचो तपशील, पिन आनी ओटीपी मागतात.

लोकांक फोन करून वा वॉयस मेसेज धाडून आपूण नामनेच्या कंपनीचो खास करून बँकेचो आनी अर्थीक संस्थेचो प्रतिनिधी म्हूण सांगतात आनी डेबिट कार्ड / क्रेडीट कार्ड सारकिली म्हत्वाची आनी गुपीत म्हायती घेतात.

अशा फटीच्या फोन कॉला विशीं सावधान रावचें. आपल्या डेबिट कार्ड वा क्रेडीट कार्डाचो तपशील, बँकेचो तपशील, पिन वा ओटीपी सारकिलो तपशील कोणाकूच दिवचो न्हय अशी सुचोवणी गोंय पुलिसांनी केल्या.

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA